- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आफ्रिकेकडे फक्त कच्च्या मालाचो स्रोत म्हणून न्हय तर मूल्य निर्मिती आणि शाश्वत विकासात अग्रणी भूमिका साकारपी खंड म्हणून पळोवपाक जाय हाजेर भर दिला.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी घाना, त्रिनिदाद आनी टोबॅगो, आर्जेन्टिना, ब्राझील आनी नामिबिया ह्या पांच राश्ट्रांची येसस्वी भोंवडी करून मायदेशाक परततात.
- गृहमंत्री अमित शहा आज रांचींत जावपी 27वे उदेंत विभागीय मंडळाचे बसकेची येजमानकी चलयतले.
- भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसां खातीर मध्य प्रदेश, छत्तीसगड आनी विदर्भात गडगडपा संयत उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.
- मॅन्चेस्टरांत जाल्ले चवथे टी-20 मॅचींत भारतीय बायलांच्या क्रिकेट पंगडान यजमान इंग्लंडाक स विकेटींनी हारयलो आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत 3-1 अशी आघाडी घेतली.

PM –150

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आफ्रिकेकडे फक्त कच्च्या मालाचो स्रोत म्हणून न्हय तर मूल्य निर्मिती आणि शाश्वत विकासात अग्रणी भूमिका साकारपी खंड म्हणून पळोवपाक जाय हाजेर भर दिला. काल नामिबियाच्या संसदेक संबोधित करतना, प्रधानमंत्री मोदीं हाणी आफ्रिकन संघाच्या अजेंडा २०६३, खासा करून ताच्या औद्योगिकीकरणाच्या उद्दिष्टांक भारताच्या मजबूत पाठिंब्याचा पुनरुच्चार केला. संरक्षण आणि सुरक्षा यासारख्या महत्त्वाच्या क्षेत्रात सहकार्य वाढवपाच्या भारताच्या वचनबद्धतेचो तांणी पुनरुच्चार केला. सामुहीक यत्न करपाचो उलो मारून प्रधानमंत्र्यान आफ्रिकन देशांनी सत्तेंतल्यान न्हय तर भागीदारींतल्यान आपलो फुडार घडोवचो, तेच बरोबर आपली स्वदेशी अस्मिताय तिगोवन दवरची अशें आवाहन केलें.

प्रधानमंत्र्यांनी पुनरुच्चार केला की भारत आफ्रिकेत स्थानिक कौशल्ये निर्माण करपाखातीर, स्थानिक नोकरयो निर्माण करपाखातीर आणि स्थानिक नवोपक्रमांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर गुंतवणूक करतलो. आफ्रिकन तरणाट्यांची क्षमता निर्माण करपाचेर आनी नामिबियांत भलायकी सेवा मुळावी बांदावळ वाडोवपाचेर भारतान लक्ष केंद्रीत केल्ल्या विशीं प्रधानमंत्री उलयलें. उद्देजकता, भलायकी आनी डिजिटल सहकार्या सयत भारत-नामिबिया मदीं केल्ल्या एमओयू वरवीं द्विपक्षीय संबंद घटमूट जातले अशें मोदी हांणी सांगलें.

PM – 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी घाना, त्रिनिदाद आनी टोबॅगो, आर्जेन्टिना, ब्राझील आनी नामिबिया ह्या पांच राश्ट्रांची येसस्वी भोंवडी करून मायदेशाक परततात. ताच्या भेटीच्या निमाण्या टप्प्यांत भारत आनी नामिबिया हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हाजिरेंत, नामिबियांत उद्देजकताय

उदरगत केंद्र स्थापन करपा विशीं आनी भलायकी आनी वैजकी मळार सहकार्याचेर दोन समजिकाय कबलातीचेर  सयो केल्यो.

Amit Shah – 70

गृहमंत्री अमित शहा आज सकाळी इकरा वरांचेर रांचींत जावपी 27वे उदेंत विभागीय मंडळाचे बसकेची येजमानकी चलयतले. हे बसकेंत झारखंड, बिहार, ओडिशा आनी अस्तंत बंगालांतले 70 प्रतिनिधी वांटो घेतले.

ओडिशाचें प्रतिनिधित्व मुख्यमंत्री मोहनचरण मांझी, उपमुख्यमंत्री पार्वती परिदा, मंत्री मुकेश महालिंगम, बिहाराचे प्रतिनिधित्व करतले उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी आनी अस्तंत बंगालाचे प्रतिनिधित्व मंत्री चंद्रिका भट्टाचार्य करतले. झारखंडाचें प्रतिनिधित्व मुख्यमंत्री हेमंत सोरेन, मुखेल सचीव, गृह सचीव, पुलीस महासंचालक आनी हेर अधिकारी करतले.

Amit Shah Camel – 105

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी आंतरराष्ट्रीय सहकार वर्साच्या निमतान गुजरात, मध्य प्रदेश आनी राजस्थानांतल्या सहकारी संस्थां कडेन संबंदीत बायलो आनी हेर कामगारां कडेन संवाद सादलो. शाह हाणी कच्छ जिल्हयांतल्या कॅमल ब्रीडर मालधारी सहकारी संस्थेचे मिरालबेन राबारी हांचे कडेनय संवाद सादलो. ह्या संवादांत मिराल्बेन हांणी उंटाच्या दुदाची रसायनीक चांचणी करून संशोधन करपाची विनंती केली, ताचेर शाह हाणी जाप दिली की चार आयुर्वेदिक कंपनी उंटाच्या दुदाच्या वखदी गुणधर्मांची चांचणी करतात.   (Byte)

Jal Shakti – 70

केंद्रीय जलशक्ती मंत्री सी.आर.पाटील हांच्या अध्यक्षतेखाला स्मार्ट न्हय व्यवस्थापनाचेर चर्चा करपाखातीर उंचेल्या पावडयावेली बसका जाली. न्हंयांच्या पुनरुज्जीवना खातीर नवनिर्माण आनी आंतरराष्ट्रीय सहकार्याचेर हे बसकेंत भर दिलो. आयआयटी बीएचयू आनी आयआयटी दिल्ली सयत पंगडांनी दाखयल्ली सहयोगी भावनेचे, तांत्रिक नवोपक्रमाचे आणि वैज्ञानिक सखोलतेचे केंद्रीय मंत्र्यांनी कौतुक केले.  “अविरल और निर्मल गंगा” या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार करून, पाटील हाणी सगळ्या भागधारकांक म्हत्वाच्या या उपक्रमाच्या अंमलबजावणीक गती दिवपाचे आणि महत्वाच्या नदी प्रणालींत ताचो विस्तार करपाचे निर्देश दिले.

Sitharaman – 140

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल बिगर-बँकिंग वित्तीय कंपन्यांनी (एनबीएफसी)नि तांच्या मुख्य मान्यता आणि नीतिमत्तेचा भाग म्हणून प्रशासन, जोखीम व्यवस्थापन आणि ग्राहक संरक्षण एकत्रित करपाची गरज हाजेर भर दिला. नवी दिल्लीत जालल्या एनबीएफसी संगोष्ठी-२०२५ क संबोधित करतना अर्थमंत्र्यांनी सांगले, एनबीएफसी मॉडेल जसजसे परिपक्वजाता तशेतसे जोखीम व्यवस्थापनाचेर लक्ष केंद्रित करपाक जाय.

एनबीएफसी क्षेत्राचीं मुळावीं तत्वां घटमूट भांडवल साठवण, घटमूट व्याज मार्जिन आनी उत्पन्न, आनी उण्या लुकसाणाच्या पातळेचेर आदारीत आसात अशें  सीतारमण हांणी सांगलें. महामारी

उपरांत मालमत्तेचो दर्जो स्थिरपणान सुदारला आनी एनबीएफसी क्षेत्रांतली एकूण अनुत्पादक मालमत्ता मार्च 2021 वर्सा 6.4 टक्क्यांवयल्यान मार्च 2025 वर्सा सध्याच्या 3 टक्क्यांच्या पांवड्यार स्थिरपणान घसरल्याअशी म्हायती तानी दिली. तशेंच एनबीएफसी आनी बँकां मदीं खास करून सह-रिण वेवस्थे वरवीं खोलायेन सहकार्याची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो आनी अशी भागीदारी संस्थागत आनी विस्तारीत करची अशें सुचयलें. गिरायकांची प्रत्यक्ष गरज आनी परतफेड करपाची तांक हांचेर आदारून रिण दिवपाक जय अशें सीतारमण हांणी सांगलें.

IMD – 50

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन  दिसां खातीर मध्य प्रदेश, छत्तीसगड आनी विदर्भांत गडगडपा संयत उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेंच ह्या म्हयन्याचे 15 मेरेन देशाच्या उत्तर आनी उदेंत वाठारांनी व्हड ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. आज मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगा मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.

Jitendra singh – 80

केंद्रीय कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी काल भौशीक कागाळी सोडोवपाचे पद्दतींत आमूलाग्र बदल करपाचो उलो मारलो आनी नागरिकांचें समाधान सुनिश्चीत करपा खातीर कागाळी निवारण फकत निवाडो करपा मेरेन मर्यादीत आसूंक फावना हाचेर भर दिलो. नवी दिल्लींत राष्ट्रीय कार्यशाळेंत उलयतना डॉ जितेंद्र सिंग हांणी म्हणलें, धोरणां आनी प्रशासकीय नेमांतल्यो त्रुटी वळखुपाची संद म्हणून आमी कागाळीं कडेन पळोवचीं. कागाळी निवारण हें पद्धतशीर सुदारणा आनी जीवनमान सुलभ करपाचे  साधन आसूंक जाय अशें केंद्रीय मंत्र्यांनी सांगलें.

Bihar –110

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत राज्यमंत्री कमलेश पासवान हांणी सांगलें, सरकारान गांवांक बरे तरेन जोडणी दिवपा खातीर पीएम ग्रामीण सदक येवजणेचो चवथो टप्पो सुरू केला. पाटणात प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना पासवान हांणी सांगलें की पीएम ग्राम सदक येवजणेच्या चवथ्या टप्प्या खाला गांवगिऱ्या वाठारांनी 46 हजार किलोमीटर नवे रस्ते बांदतले आनी ताचे खातीर केंद्र 76 हजार कोटी रुपया दितलें. बिहार सयत सगल्या राज्य सरकारांक बेगीनांत बेगीन सर्वेक्षण अहवाल सादर करपाक सांगलां अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत विकसीत भारताच्या मार्गाचेर मुखार वता अशें केंद्रीय मंत्र्यान सांगलें. हाचे आदीं  पासवान हांणी मनरेगा, PMAY आनी हेर केंद्रीय प्रायोजीत येवजण्यांच्या प्रगतीचो नियाळ राज्य मंत्री श्रवण कुमार आनी खात्याच्या हेर अधिकाऱ्यां कडेन  घेतलो.

Cricket – 90

मॅन्चेस्टरांत जाल्ले चवथे टी-20 मॅचींत भारतीय बायलांच्या क्रिकेट पंगडान यजमान इंग्लंडाक स विकेटींनी हारयलो आनी पांच मॅचींच्या मालिकेंत 3-1 अशी  आघाडी घेतली. 127 धांवड्यांच्या

लक्ष्याक जाप दितना भारतान 4 विकेटी वगडावन 17 ओव्हरींनी लक्ष्य साध्य केलें. सलामीवीर स्मृति मन्धानांन 32 आनी शेफाली वर्मान 31 धांवड्यो केल्यो.पयलीं इंग्लंडान 20 ओव्हरींनी 7 बाद 126 धांवड्यो केल्यो. हरमनप्रीत कौर हाच्या फुडारपणा खाला भारतान नॉटिंघमांत 97 धांवड्यांचे जैत मेळोवन मालिकेची सुरवात केली. ब्रिस्टलांत 24 धांवड्यांनी जैत मेळोवन भारतान 2-0 अशी आघाडी घेतली. लंडनांत जाल्ले तिसरे मॅचींत इंग्लंडान पांच धांवड्यांनी जैत मेळयलें.